गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी गोंय
सरकारी पत्रक

राज्य वेंचणूक आयोगाक स्कॉच ऑर्डर ऑफ मॅरीट पुरस्कार

ता. 16 सप्टेंबर 2019

वेंचणूक वेवस्थापन पद्दतीच्या यशस्वी अंमलबजावणी खातीर गोंय राज्य वेंचणूक आयोगाक राष्ट्रीय पातळीचेर स्कॉच ऑर्डर ऑफ मॅरीट पुरस्कार फावो जाला. राज्य वेंचणूक आयुक्त श्री. आर. के. श्रीवास्तव, आयएएस ( निवृत्त ) हांणी हो पुरस्कार आयज राज्यपाल श्रीमती मृदुला सिन्हा हांचे समक्ष भेटयलो. राज्य वेंचणूक आयोगाचे सचीव श्री. मॅल्वीन वाज आनी नोडल ऑफिसर (आयटी) श्री. सागर गुरव हेवूय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले. राज्यपालान राज्य वेंचणूक आयोगाच्या कामाची तोखणाय करून अधिकाऱ्यांचे अभिनंदन केले.

वेंचणूक वेवस्थापन यंत्रणे वरवीं वेंचणूक प्रक्रिया पुर्ण करप, देखरेख दवरप आनी वेंचणूक सुरळीत, मुक्त आनी न्याय पद्दतीन घेवपा खातीर इलेक्ट्रॉनिक डाटा प्रोसेसिंग सॉफ्टवेअर तयार केल्ले आसा. उमेदवारी अर्ज स्वीकारप ते निकाल जाहिर करपा मेरेन आनी वेंचणूक प्रक्रिया बेगीन पुर्ण करपा खातीर ह्या यंत्रणेची मजत जाता. 2017 सावन सगळ्यां वेंचणूकांनी ह्या वेवस्थापन यंत्रणेचो यशस्वी तरेन वापर जाला.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/582
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA